**मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकीं राजशास्त्र कोशाचें विमोचन**

ता. 18 सप्टेंबर 2023

कोंकणी विशय घेवन बी.ए., एम.ए. करपी विद्यार्थ्यां खातीर रोजगाराची संद तयार करपाचो यत्न गोंय सरकार करता अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. गोंय सरकाराच्या राजभाशा संचालनालयाच्या भाशा संशोधन विभागा वतीन राजशास्त्र कोशाच्या विमोचना वेळार ते उलयताले.

नामनेचे व्याकरणकार आनी कोशकार श्री. सुरेश बोरकार हांणी इंग्लीश-कोंकणी राजशास्त्र कोशाची निर्मिती केल्या. हे कार्यावळीक राजभाशा सचीव श्री. सरप्रीत सिंग गिल, आयएएस; राजभाशा संचालक श्री. राजू वि. गावस, राजभाशा उपसंचालक श्री. अनिल ह. सावंत, राजभाशा संचालनालयाचे हेर कर्मचारी श्री. सेबी फर्नांडीस, कुमारी स्नेहा सबनीस, श्री. पांडुरंग नाईक, श्री. इनासियो गोम्स, श्री. किशोर सावंत हाजीर आशिल्ले. हो विमोचन सुवाळो शुक्रार, 15 सप्टेंबर 2023 ह्या दिसा पणजे आल्तीनार, मुख्यमंत्र्यांच्या सरकारी निवासस्थानाचेर जालो. ह्या वेळार, श्री. सुरेश बोरकार हांणी कोंकणी मळार दिल्ल्या योगदाना खातीर मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकीं तांकां मानचिन्न भेटोवन तांचो भोवमान केलो.

अर्थसंकल्पी अधिवेशना वेळार घोशणा केल्ले प्रमाणें, राजभाशा संचालनालयांत भाशा संशोधन विभागाची स्थापना केल्या. ह्या विभागा वतीन राजशास्त्र कोश प्रकाशीत जाता हाची म्हाका खोस भोगता अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणलें. संचालनालय वेग-वेगळ्या विशयांचे कोश तयार करता. ह्या कोशांचो आदार अनुवादकांक अणकार करतना जातलो अशी आस्त मुख्यमंत्र्यांनी उक्तायली.

राजशास्त्र कोशाची निर्मिती केल्ले खातीर मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी श्री. सुरेश बोरकार हांचें अभिनंदन केलें. श्री. बोरकार हांचे कडल्यान प्रेरणा घेवन युवा पिळगेन कोंकणी भाशेच्या विंगड विंगड मळांचेर वावर आनी संशोधन करचें असो उलो तांणी मारलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/732

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.